# <u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं इंधन बचत मोहिमेचे उक्तावण</u>

ता. 19 जानेवारी 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी हालीच पेट्रोलिएम आनी नॅच्युरल गॅस मंत्रालयाच्या पेट्रोलिएम कंजर्वेशन एण्ड रिसर्च संघटनेन आयोजीत केल्ल्या कार्यक्रमात इंधन बचत मोहिमेचे उक्तावण केले. हरीत आनी नितळ उर्जा ह्या संकल्पनेचेर आयोजीत कार्यक्रमाक तेल उद्देग राज्य समन्वयक श्री. सुध्दार्थ स्वरूप हाजिर आशिल्ले.

मोहिमेचे ऑनलायन उक्तावण केले उपरांत उलयताना मुख्यमंत्र्यान म्हणले, भारत देश इंधन क्षेत्रातल्या विकासाच्या बाबतीत एक म्हत्वाचो देश आसा आनी 5 ट्रिलियन डॉलर आर्थिक उद्दीश्ट गाठपाखातीर सकारात्मक काम करता. भारत सरकारान सुरू केल्ल्या आत्मनिर्भर भारत मोहिमेची तोखणाय करून मुख्यमंत्र्यान हरीत आनी नितळ उर्जा क्षेत्रात सतत वाड जाल्ल्याचे म्हणले. उर्जा क्षेत्रातल्या कार्यक्षमतेत भारतात उर्जा क्षेत्रात आत्मनिर्भर जावपाचो मार्ग उक्तो जातलो, अशें सांगून श्री. सावंत हांणी प्रधानमंत्री उजाला येवजण, सीएनजी येवजणेचो विस्तार, कॉम्प्रेसड बायोगॅस प्लांट, इलेक्ट्रीक वाहन चार्जिंग स्टेशन, बायोफ्युअल अशां कांय येवजणांचो उल्लेख केलो.

गोंयांत इंधन बचत क्षेत्रात जावपी विकासाचो उल्लेख करून पर्यावरणाक योगदान दिवपी सीएनजी येवजणेचो विस्तार, नॅच्युरल गॅस वाहिनी, इव्ही चार्जिंग स्टेशन्स, सोलर पॉवर प्रकल्पांची म्हायती दिली.

मुक्यमंत्र्यान लोकांच्या सहभागान ह्या मोहिमेच्या काळांत 15 फेब्रुवारी 2021 मेरेन चलपी सक्षम सारख्या कार्यक्रमांच्या म्हत्वाचेर भर दिलो आनी लोकांनी अशां कार्यक्रमांत उमेदीन आनी व्हडा संख्येन वाटो घेवन उर्जा बचत, हरीत आनी नितळ उर्जा आनी आत्मनिर्भर भारत मोहिमेक योगदान दिवपाचो उलो मारलो.

ह्या वेळार इंधन बचत कार्यक्रमाखाला कदंब येरादारी महामंडळाच्या वास्को डेपोक 50,000/- चो रोख पुरस्कार आनी चषक भेटयलो.

सुरवातीक श्री. स्वरूप हांणी येवकाराच्या उलोवपात सक्षम-2021 कार्यक्रमाची म्हायती दिली.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/84

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji